# मे 2020 म्हयन्याचो रेशन कोटा

पणजी, एप्रील 25,2020
वैशाख 05, 1942

राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा अधिनेम 2013 खाला नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान मे 2020 ह्या म्हयन्याचो मंजूर जाल्लो रेशन कोटा सकयल दिल्ल्या प्रमाणे आसाः अंत्योदया अन्न योजना (एएवाय) अंतर्गत कार्ड धारकांक प्रत्येकी 3 रुपये प्रति किलो प्रमाणें 35 किलो तांदूळ आनी 5 किलो तांदूळ प्रधानमंत्री- जीकेएव्हाय प्रति लाभार्थ्यांक (निःशुल्क) आनी 13.50 रुपये प्रति किलो प्रमाणे 1 किलो साकर आनी एप्रील, मे आनी जून 2020 म्हयन्या खातीर प्रधानमंत्री- जीकेएव्हाय कार्ड धारकांक प्रत्येक कार्डाचेर 3 किलो तुरडाळ निःशुल्क दितले.

प्राधान्य कुटुंब (पीएचएच) योजने खाला प्रत्येक लाभार्थ्यांक 3 रुपये प्रति किलो प्रमाणे 5 किलो तांदूळ आनी 5 किलो तांदूळ प्रधानमंत्री- जीकेएव्हाय प्रति लाबार्थ्यांक (निःशुल्क), गोंय सरकारा वतीन एप्रील, मे आनी जून 2020 म्हयन्या खातीर प्रत्येक कार्डाचेर 13.50 रुपये प्रति किलो प्रमाणें 3 किलो साकर आनी प्रधानमंत्री- जीकेएव्हाय कार्ड धारकांक खातीर प्रत्येक कार्डाचेर 3 किलो तुरडाळ एकाच वेळार एप्रील, मे आनी जून 2020 म्हयन्या खातीर निःशुल्क दितले.

त्याच प्रमाणे गरिबी रेशे वयल्या (एएवाय) कार्ड धारकांक 12.50 रुपये प्रति किलो दरान 8 किलो तांदूळ प्रति कार्ड आनी गोंय सरकारा कडल्यान 12.50 रुपये प्रति किलो दरान 5 किलो अतिरिक्त तांदूळ प्रति कार्ड, 10 रुपये प्रति किलो दरान 4 किलो गंव प्रति कार्ड, गोंय सरकारा वतीन 2 किलो तुर डाळ एप्रील आनी मे 2020 म्हयन्या खातीर एकाच वेळार 83 रुपये प्रति किलो प्रमाणे दितले. तशेंच प्रत्येक एएनपी कार्ड धारकां खातीर 10 किलो तांदूळ निशुल्क दितले आनी गोंय सरकारा वतीन एकाच वेळार एप्रील आनी मे 2020 म्हयन्या खातीर कार्ड धारकांक प्रत्येक कार्डाचेर 83 रुपये प्रति किलो प्रमाणे 2 किलो तुरडाळ दितले.

कल्याण संस्था योजनेच्या लाभार्थ्यांक 15 किलो तांदूळ वा गंव रहिवाशांक मेळटले. 6.15 रुपये प्रति किलो दरान 15 किलो तांदूळ दरेका रहिवाशांक प्रति

आनी 4.80 रुपये प्रति किलो दरा प्रमाणे 15 किलो गंव दरेका रहिवाशांक प्रति दरान दितले.

स्वस्त धान्य दुकानांच्या मालकांक विनंती केल्या की तांणी आपलो कोटा बेगीन घेवचो आनी तांका मंजूर जाल्लो कोटा 7 मे 2020 दिसा वा तांचे पयली घेवचो आनी कोटा घेवपा खातीर मुदतवाढ दिवचेनात. स्वस्त धान्य दुकानदारानी स्टॉक म्हायती तशेंच गिरायकाच्या म्हायती खातीर धान्याचे नमुनो दर्जो दाखोवप आवश्यक आसा. रेशन कार्डधारकांनी मे 2020 चो धान्य कोटा तांच्या संबंदीत स्वस्त धान्य दुकानातल्यान रोखडोच घेवचो.

सगळ्या कार्डधारकांक/गिरायकांक सांगला की तांच्यो कसल्योय तक्रारी आसल्यार तांणी पेडणें, दिवचल, सत्तरी, तिसवाडी, फोडें, साश्टी, मुरगांव, केपें, सांगे, काणकोण तालुक्यातलो संबदीत जोड मामलतदार - I आनी बार्देश तालुक्याचो जोड मामलतदार –III वा नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खातें, जुन्ता हावस, पणजी हांगा नोंद करची.

हॅल्पलायन क्र. 1967, 18002330022 आनी तालुक्या प्रमाणें संपर्क क्रमांक सकयल दिल्ल्या प्रमाणेः
पेडणें 2201700, बार्देस 2266720, तिसवाडी 2220225, दिवचल 2360500, सत्तरी 2374900, फोडें 2319341, साश्टी 2725099, मुरगांव 2500550, केपें 2662500, काणकोण 2644425, सांगे 2604090 आनी धारबांदोडा 2614021.

डीआय/एनबी/जेए/एनपी/वीएजी/2020/1917

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA